**राज्यपालांच्या हस्तुकीं रक्त चंदन उद्यानाचें उक्तावण**

ता. 15 सप्टेंबर 2023

राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज दोनापावला राजभवन वाठारांत रक्त चंदन उद्यानाचें उक्तावण केले. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांचो 17 सप्टेंबराक 73 वो वाडदीस आसून त्या निमतान रक्त चंदन उद्यानाचें उक्तावण केले.

राजभवन आनी राना खात्यान ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती के. रिटा पिल्लई हांचीय ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली. राज्यपाल आनी श्रीमती पिल्लई हांणी चंदनाचे रोपटे रोयले.

रक्त चंदन उद्यान साकार करपा खातीर सहकार्य केल्ल्या सगळ्यांचे उपकार मानून पर्यावरण सांबाळपा खातीर अशां उपक्रमांची गरज आशिल्ल्याचें राज्यपालान सांगलें.

रक्त चंदन उद्यान हो राज्यपालान राजभवन वाठारांत हातांत घेतिल्लो एक तोखणायेचो उपक्रम आसून मौल्यवान अशां रक्त चंदनाच्या लागवडीक प्रोत्साहन दिवपी आसा. हो प्रकल्प पर्यावरणाचो सांबळ आनी देशाच्या शाश्वत विकासाचो पुरावो आसा.

रक्त चंदनाच्या झाडाक सांस्कृतिक, आर्थिक आनी पर्यावरणीय म्हत्त्व आसा आनी हे उद्यान मौल्यवान चंदन प्रजातीचे जतन करपाक म्हत्त्वपूर्ण थारतले.

राज्यपालांचे सचीव श्री एम आर एम राव हांणीय कॅम्पसात रक्त चंदनाचे रोपटे लायले. ह्या वेळार राना खात्याचे श्री उमाकांत प्रसाद, श्री. प्रवीण के. राघव, श्री. सौरभ कुमार, श्रीमती तेजस्विनी पुसुलुरी, श्रीमती क्लिफा डिकॉस्ता, श्रीमती मारियाना आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/729

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.